# ट्राफिक सेन्टिनल येवजणेक लोकांचो बरो प्रतिसाद

ता. 2 फेब्रूवारी 2018

13 माघ 1939

येरादारीचे कायदे आनी नेम पाळपाच्या दृश्टीन येरादारी पुलीस विभागान सूरू केल्ल्या ट्राफिक सेन्टिनल येवजणेक नागरिकांकडल्यान बरो प्रतिसाद मेळटा. रस्त्यार येरादारीचे नेम मोडप्यांआड नागरिकांकडल्यांन येवपी कागाळी दिसान दीस वाडत आसा. येरादारीचे नेम मोडपी चालक वा मालकांक ताच्या नाम्याचेर नोटिस धाडून कागाळीक उत्तर दिवपाखातीर येरादारी विभागात येवपाक कळीत करतात.

येरादारी विभागान दक्षिण गोंयातल्या वाहन चालक-मालकांक पणजे येवपाक अडचण जाता ते पळोवन आता दक्षिण गोंयात येरादारी पुलीस उपअधिक्षकाच्या कार्यालयात विस्तार कक्ष स्थापन केला. येरादारीचे नेम मोडपी दक्षिण गोंयातल्या वाहन चालक-मालकांनी आपल्या आडची कागाळ पालोवपाक ह्या कक्षात संपर्क करचो.